राश्ट्रीय खबरो

17 नोव्हेंबर ,6.30 वरां.

राश्ट्रपती 85

भारतान मलेरियाचेर नियंत्रण मेळोवपा खातीर बरीच प्रगती केल्या अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें.

नवी दिल्लींत 'इंडियन कावंन्सिल ऑफ मेडिकल रिसर्च-नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ मलेरिया रिसर्साच्या सुवर्ण महोत्सवी सुवाळ्याक संबोधित करतानां त्यो उलयताल्यो. फाटल्या दसकांत मलेरियाचे दुयेंती आनी मरणां सुमार 80 टक्क्यांनी उणीं जाल्यांतत. जाल्यार मलेरियाच्यो सगळ्यांत चड भार आशिल्ल्या जिल्ह्यांचो आंकडो एकशें पंचावन्ना वेल्यान तेत्तिसाचेर आयला.

2022 ते 2025 ह्या काळांत 160 जिल्ह्यांनी मलेरियाचे दुयेंती शून्य जाल्यात अशें राश्ट्रपती मुर्मु हांणी सांगलें. मलेरिया ना नपयत करपा खातीर जागृताय आनी समाजाचो सहभाग गरजेचो आशिल्ल्याचें मुर्मु हांणी सांगलें.

पीएम 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भारत आनी आसियान हांचेमदल्या वाडते भागीदारीचेर उजवाड घातलो आनी इंडो-पॅसिफिक मळार शांतिकाय, स्थिरता आनी समृद्धी सुनिश्चित करपा खातीर अदीक सहकार्य करपाचें आवाहन केलें. ते फिलिपिन्सांतल्या मनिला हांगासर आयोजित केल्ल्या तेविसाव्या आसियान-भारत शिखर परिषदेंत उलयताले.

ह्या स्वरूपातली आशियान फुडाऱ्या वांगडची तांची ही तेरावी भेट आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनी नमुद केलें. तशेंच फाटल्या कांय वर्सांनीं भारताच्या 'ॲक्ट ईस्ट' (Act East) धोरणा खातीर भारत-आशियान संबंधांक नवी गती मेळिल्ल्याचें तांणी सांगलें.

द्विपक्षीय सहकार्याचो विस्तार अधोरेखित करतानां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें सामायिक संस्कृती आणि दायजाचेर आधारित ही भागीदारी आता डिजिटल तंत्रगिज्ञान, संरक्षण आनी अंतराळ हे सारख्या नव्या मळांचेर विस्तार करता .

नीती आयोग 75

नीती आयोगान नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपम हांगासर 'लीडरशिप ॲज मिशन' ह्या पाच-भागांच्या कार्यशाळा माळेंत आयज पयली कार्यशाळा सुरू केली.

ह्या कार्यशाळांनीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो शासन मुखेली म्हणून २५ वर्सांच्या कार्यकाळातल्या अणभवनांतल्यान धडे घेतले आनी ही माळ फुडल्या ऑक्टोबर मेरेन सुरू उरतली.

'विकसित भारत २०४७चे उद्दिष्ट ३० ते ४० ट्रिलियन डॉलर्साची अर्थवेवस्था घडोवपाचें आसा आनी हाचे खातीर वर्सुकी ७ ते १० टक्के जीडीपी (GDP) वाडीची गरज आशिल्ल्याचें नीती आयोगाचे उपाध्यक्ष अशोक कुमार लाहिरी हांणीं सांगलें.

राजनाथ 75

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग फाल्यां सावन सुरू जावपी दोन दिसांच्या जपान भेटी वेळार भारत-जपान विदेश वेव्हार आनी संरक्षण मंत्र्यांच्या संवादाच्या चवथे आवृत्तेंत वांटो घेतले.

हे भेटी वेळार संरक्षण मंत्री आपल्या जपानी समकक्षा कडेन द्विपक्षीय चर्चा साधतले. संरक्षण मंत्री आनी विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर, तांचे जपानी समकक्ष हांचे वांगडा संवादाचे सह-अध्यक्ष आसतले. ह्या संवादांत द्विपक्षीय रणनिती आनी संरक्षण सहकार्याचो, प्रादेशिक आनी संवसारीक घडामोडींचो, आनी मुक्त, उक्त्या आनी नेमाचेर आदारिल्ल्या भारत-पॅसिफिक देशाच्या वचनबद्धतेचो नियाळ घेतले.

खेळ 80

भारताचे आदले क्रिकेट पंगडाचे कर्णधार महेंद्र सिंग धोनी हांची आय.पी.एलांतल्यान खेळगडो म्हणून कारकीर्द आयज सोपली. आता तांका 'चेन्नय सुपर किंग्स पंगडाचे मार्गदर्शक म्हणून नियुक्त केला.

येता त्या हंगामा खातीर खंयच्या खेळगड्यांक पंगडांत कायम दवरचे हे खातीर जाल्ले चर्चे मजगतीं धोनी हाणीं निवृत्त जावपाची इत्सा उक्तायल्ली अशें पंगडाच्यो सह-मालक रूपा गुरुनाथ हांणी सांगलें.

पंगडांत कित्तेक तरणाटे खेळगडे आशिल्ल्यान धोनी हांचें मार्गदर्शन सी.एस.केच्या फुडले पिळगेक घडोवपा खातीर मेळटलें. अशें ताणीं सांगलें. ह्या सुपरस्टार विकेटकीपर-बॅट्समनान 2020 वर्सा आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट खेळांतल्यान निवृत्तीची घोशणा केल्ली.

हवामान 65

दक्षिण बंगालच्या उपसागराच्या मध्यवर्ती भागांत आनी ताका लागसार आशिल्ल्या पश्चिम-मध्य बंगालच्या उपसागरात आशिल्लें 'अकवान' (Akvan) हें चक्रीवादळ उत्तर-वायव्य दिकेन सरकला.

भारतीय हवामान विभागान (IMD) दिल्ले माहिती प्रमाण वायव्य दिकेन प्रवास सुरू दवरीत हें वादळ शुक्रारा 'अति खर चक्रीवादळ' म्हणून आंध्र प्रदेश आनी यानम दर्यादेगेर, नेल्लोर आनी तुनी मजगतीच्या भागांनीं धडकुपाची शक्यताय आसला. हवामान विभागान नुस्तेमाऱ्यांक

ह्या म्हयन्याच्या २० तारके मेरेन बंगालच्या उपसागरांत देवचें न्हय अशी शिटकावणी दिल्या.